**प्रजासत्ताक दिसानिमतान राज्यपाल श्री. भगतसिंग कोश्यारी हांचो  संदेश**

ता. 25 जानेवारी 2021

राज्यपाल श्री. भगतसिंग कोश्यारी हांणी गोंयच्या लोकांक  प्रजासत्ताक दिसाच्या  शुभ प्रसंगार परबीं भेटयल्या. राज्यपाल आपल्या संदेशात म्हणटा, "72 व्या भारतीय प्रजासत्ताक दिसाच्या शुभ प्रसंगार तुमकां सगळ्यांक म्हजी  ह्ननह्ननीत परबीं भेटोवपाक म्हाका खुशालकाय जाता. आपल्या भारत देशाच्या सगळ्यां नागरिकांक न्याय, स्वातंत्र्य, समानताय आनी बंधुत्वाची खात्री आनी सुरक्षीतता दिवपा खातीर 1950 वर्सा ह्याच दिसा आमचे संविधान अमलांत आयले.

फाटल्या सात दशकांसावन भारतान स्वता एक मजबूत लोकशाय देश आशिल्ल्याचे  दाखोवन दिला. वेंचणूकांच्या प्रक्रियेतल्यान केंद्र, राज्यां आनी थळाव्यां आप-वावूरपी प्रशासनीक संस्थांक प्रत्येक पाच वर्सांखातीर राजकीय अधिकाराचे स्थित्यंतर दिवपाची प्रक्रिया सदाच सुरळीत आनी यशस्वीपणान पुर्ण केल्ली आसा. तशेंच भारत देश आपल्या  सार्वभौमत्वाक पाळो दिवपाक   आनी धर्मनिरपेक्षतेची राखण करपाक केन्नाच चुकिल्लो ना.

फाटले एक वर्स कोवीड-19 म्हामारीत गेले. कोवीडाक लागून सगळ्या संवसारातल्या सामाजीक-आर्थिक वेवस्थक बादा जाली आनी लोकांच्या जीणेचेर  परिणाम जालो.  भारतात प्रधानमंत्री श्री. नरेंद्र मोदी हांच्या निर्णायक आनी दूरदृश्टीच्या फुडारपणाखाला आमी आमच्या भावनांचेर नियंत्रण दवरून कोवीडाचो संसर्ग पातळपाचे आनी मरणाचे प्रमाण कमी करपा बाबतीत तोखणायेचो वावर केला. आनीक एक समाधानाची गजाल म्हळ्यार णव म्हयन्याच्या अल्प काळांत कोवीड संसर्गाआड वासीन तयार करपाक आमका शक्य जाला आनी देशांत सगळीं कडेन वासीना दिवपाचो कार्यक्रम यशस्वीपणान चालू आसा. आयज जगान भारतान कोवीड-19 संसर्गाचेर नियंत्रण मेळोवपा खातीर केल्ल्या वावराची दखल घेतिल्ली आसा. गोंयांत म्हज्या सरकारानय मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांच्या युवा आनी गतिमान नेतृत्वाखाला कोवीड म्हामारीचेर नियंत्रण दवरपाक उत्कृश्ट काम केल्ले आसा. राज्यांत संसर्ग पातळपाचेर यशस्वीपणान नियंत्रण दवरिल्ले खातीर हांव मुख्यमंत्री आनी तांच्या मंत्रीमंडळातले सगळे वांगडी, अधिकारी, डॉक्टर आनी कोरोना योध्द्यांचे हांव अभिनंदन करता. कोवीड म्हामारीच्या संकटाच्या काळांत प्रधानमंत्र्यानी आत्मनिर्भर भारताखातीर मारिल्ल्या  कळकळीच्या उल्याचो नाद देशभर घुमलो. गोंयांन "स्वयंपुर्ण गोंय" मोहिम सुरू करून हेर देशाखातीर आदर्श थारिल्ले आसा. लोककल्याणकारी

वेव्हाराचेर भर दिवन सरकार आनी लोकांमदलो दुवो साधपाखातीर ह्या मोहिमेखाला सरकारी कर्मचाऱ्यांची स्वयंपुर्ण मित्र म्हूण नेमणूक केल्या.

म्हामारीक लागून साबार आव्हांना मुखार आसून लेगीत म्हज्या सरकारान लोकांची काळजी आनी बऱ्याखातीर अनेक येवजणो आनी कार्यक्रमांची अंमलबजावणी करपाक सुरवात केली. लोकांची जीण सोयिची आनी सुखाची जावची म्हूण अनेक केंद्रीय आनी राज्य कल्याणकारी येवजणांची अंमलबजावणी केली. पर्यटन वेवसायाक सुरवात जाल्ली आसा आनी सप्टेंबर 2020 सावन वेवसाय वाडत आसा. राष्ट्रीय आनी राज्य महामार्गां बांदकामातल्यान साधनसुविधांच्या विकासात वाड जायत आसा. दाबोळी विमानतळा कडलो ग्रीड सेपरेटर पुर्ण जाल्लो आसा. मांडवी न्हंयेत पणजी हांगा उफेवपी जेटी पुर्ण करून चालू केल्ली आसा. नवो म्हत्वकांक्षी ४ लेन जुवारी पुल रोखडोच पुर्ण जावन चालू जातलो. तशेंच मोपा नव्या आंतरराष्ट्रीय विमानतळाचे बांदकाम नेटान चालू आसा. गोंय गुंतवणूक प्रोत्साहन मंडळान रू. 15,780.54 कोटीची गुंतवणूक आनी 37,247 लोकांक रोजगार निर्माण करपाची तांक आशिल्ल्या 196 प्रकल्पांक तत्वता मान्यताय दिल्ली आसा. सरकारान नोव्हेंबर म्हयन्यात ऑनलायन लग्न नोंदणी सुविधा चालू केल्या. राष्ट्रपती हस्तुकीं 60व्या मुक्ती वर्स सुवाळ्याच्या कार्यक्रमाचे उक्तावण जाला. म्हादय न्हंय तंट्याविशीं म्हजे सरकार गोंयचे हित राखपा खातीर कटीबद्द आसा. म्हादय न्हंयचे उदक कर्नाटकात वळोवपाचे बंद करपा खातीर नेटान प्रयत्न चालू आसा.

गोंय हे शांतीकायेचे राज्य जावन आसा आनी म्हजे सरकार राज्यांतले नागरीक आनी पर्यटकांखातीर पर्यावरणाची राखण करपाक कटीबद्द आसा. देशांत गोंय हे चड per capita income आशिल्ले राज्य जावन आसा. शाश्वत विकासाच्या उद्दीश्टां बाबतीत पयल्या तीन नंबरांनी स्थान मेळोवपा खातीर राज्याचे प्रयत्न आसा. भारतीय अन्न सुरक्षा आनी प्रमाणिकरण प्राधिकरणान देशांतले उत्कृश्ट प्रगती करपी राज्य म्हूण सतत दुसऱ्या वर्सा राज्यांक पुरस्कार भेटयला.

प्रजासत्ताक दिसाच्या ह्या व्हड प्रसंगार आमी आमच्या संविधानाप्रती आमचो भावार्थ मजबूत करूया आनी तो खऱ्या अर्थान आनी भावार्थान राखून दवरपाचो सोपूत घेवया, अशें राज्यपाल आपल्या संदेशात म्हणटा.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2021/111

--
Issued by Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity
3rd Floor, Udyog Bhavan,
Near Azad Maidan, Panaji